राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो 10.06.2025 @7.25 am

प्रसाद170

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान गोंय सरकारा वतीन संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ राजीव गांधी कला मंदिर फोंडया हांगा घडोवन हाडली. मुखेल सोयरे म्हूण मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत तर मानाचे सोयरे म्हूण केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हाजिर आशील्ले.

मोदी सरकारच्या कार्यकाळात अछे दिन आयाल्यात. आज गोय आणि केंद्र सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय तत्वाचेर लोकांचे काम करता आणि चालता, स्वच्छ भारत अभियान बरोबरच स्वस्थ भारत अभियान देशात सुरू आसा. गोय सरकार बऱ्यात बरे साधन सुविधा दिवपक यशस्वी जाल्या. नारीशक्ती, हर घर जल, ग्रामीण विकास योजना, स्टार्टअप मिशन, डिजीटल इंडिया अश्यो जयत्यो केंद्र सरकारच्यो योवजण गोयात बेस बऱ्या तरेन सुरू आसात. गोय राज्य पूर्णपणान स्वयंपूर्ण जावचे म्हूण सरकार काम करीत आसा. त्या खातीर सरकारनं वेगवेगळ्यो येवजण्यो चालिक लायल्यात अशें मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हानी म्हळे. Byte अंत्योदय तत्वाचेर सरकारचे येवजणयो पावोवपाक राज्य सरकार आणि केंद्र सरकार यशस्वी थारल्या. फाटली 11 वर्सा सरकारन प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत देश विकसित केला. हो देश पूरायपणान विकसित करपाक दर एकल्यान हातभार लावचो अशे ह्या वेळार राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हाणी म्हळे.

रश्मि 120

हिंटरलॅण्ड टुरीझम कशे पर्यटकामुखार दवरप हे विंशी गोंय पर्यटन खात्याची खासा बसका पणजे पर्यटन भवनात जाली. ह्यावेळार शाश्वत उदरगत करतना, पर्यटनाच्या वेगवेगल्या तासा सयत, इको टुरीझमातल्यान गोंयची राना, धबधबे, तशेचं सैमिक वाठार पर्यटकामुखार दवरपाच्या हेतान गोंय पर्यटन खाते आनी रान म्हामंडळ काम करतले अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्या बसकेउपरांत घेतिल्या

पत्रकार परीशदेत दिल्या. दर्यादेगा शिवायचे सैमान नटील्ले गोंय, पावसातले मान्सुनातले गोंय दाखोवपाखातीर गोंय रान म्हामंडळ आनी गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाच्या जोडपालवान काम करतले अशी म्हायती रान म्हामंडळाची अध्यक्षा देविया राणे हांणी दिल्या. पर्यटन थळांचेर खास करून धबधब्यांचेर भैशिक उपेगांची प्रसाधनघरा उबारप, तशेचं सुरक्षिततायेच्या नदरेतल्यान आनी धबधब्याचेंर सादुरतायेचे तक्ते लावप, आप मजत गटांनी तयार केल्यो वस्तुंक हिंटरलॅण्ड टुरीझमाच्या माध्यमातल्यान माची मेळोवन तांच्या वस्तुंक मार्केट मेळोवन दिवपाक सरकार काम करता अशी म्हायती हयावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

रश्मि 130

भौशीक संपर्क वाडोवपा खातीर आनी नागरिकांच्या समस्यांचेंर उपाय काडपा खातीर 14 जून ते 28 जून हया काळात राज्यातल्या वेगेवगळ्या पुलिस स्टेशनांनी भौशीक तक्रारी निवारण सत्रां आयोजित करपाचो निर्णय गोंय पुलिशेन घेतला. उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता तशेचं संबंधित वाठारांचे वरीश्ठ पुलिस अधिकारी हे विंशी पुलिश खात्यान नेमुन दिल्या वेळापत्रकाप्रमाण हया सत्रांचे आयोजन करतले. हांतुन उत्तर गों. वाठारात येवपी पणजी, पर्वरी, दिवचल, हणजुण, कळंगुट , साळगांव तशएचं हेर वाठारातल्या पुलिस स्टेशनाचो आसपाव आसा. ते भायर भौशीक कागाळी सोडोवपा खातीर पुलीस स्टेशनांचे सगळे पुलिस निरीक्षक दर दिसा सांजेचे 4 ते सांजवेळा 6 मेरेन उपलब्ध आसपाक जाय अशें उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षकाच्या कार्यालयातल्यान संबंधित पुलिस अधिकाऱ्यांक कळीत केला. कागाळदाराच्यो कागाळीं आयकून तांका न्याय मेळोवन दिवपाक पुलिसान

खरसाणीन वावुरपाचो आदेश  उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्त ाहांणी उत्तर गोंय च्या पुलिश अधिकाऱ्याकं दिल्या.

GSL  110

संरक्षण मंत्रालयाच्या अंतर्गत येवपी संरक्षण भौशिक क्षेत्रातलो एक प्रमुख उपक्रम आशिल्या गोवा शिपयार्ड लिमिटेड (GSL) नभारतीय नौदलाखातीर प्रतिष्ठित नेक्स्ट जनरेशन ऑफशोअर पेट्रोल व्हेसल (NGOPV) मालिकेतले चौथे जहाज, यार्ड १२८३ चे भूमिपूजन करून देशाच्या सागरी क्षमता-निर्मितीच्या प्रवासात एक महत्त्वाचा पांवडो गाठला. एके कार्यावळीत  नौदलाचे उपप्रमुख व्हाइस एडमिरल कृष्णा स्वामीनाथन यांच्या उपस्थितीत जालो. ३० मार्च २०२३ क सय केल्या ६,२०० कोटी रुपयांच्या कबलाती अंतर्गत GSL वरवी पुरायपणान इन-हाऊस डिझाइन आणि बांधणी केल्या सात NGOPV च्या बांधकामातल्या प्रगतीचे प्रतीक म्हणून ही जहाजा आसात. जीएसएलच्या जहाजबांधणी उपक्रमांन फक्त भारताची सागरी सुरक्षा यंत्रणाच बळकट जायना  तर थळाव्या परिसंस्थेक चालना दिवन, एमएसएमईंक सक्षम करून आणि हजारो रोजगाराच्यो संधी निर्माण करून राष्ट्रीय आर्थिक वाढीक महत्त्वपूर्ण योगदान दिता.

हवामान  25

राज्यात नैऋत्य मान्सून सामान्य आसा. राज्यात चडशा सुवतिनि  हलको ते मध्यम पाऊस तर काय सुवतिनि  गडगड मारून  पाऊस पडला तर कायकडे घोंग्यानी  पाऊस पडला अशे वेधशाळेन म्हणला